# गोंय राज्य जैवविविधताय जतन पुरस्कार भेटयले

ता. 3 ऑक्टोबर 2020

जैवविविधताय, जीवशास्त्र आनी पर्यावरण जतन क्षेत्रांतल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर राज्य सरकाराच्या जैवविविधताय मंडळा वतीन दिवपात येवपी 2020 वर्साचे गोंय राज्य जैवविविधताय जतन पुरस्कार हालीच साळगांव हांगा गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाच्या सभाघरांत आयोजीत कर्यक्रमात भेटयले.

पुरस्कार वितरण कार्यक्रमाक पर्यावरण सचीव श्री. कुणाल हे मुखेल सोयरे म्हुण हजर आशिल्ले. तशेंच प्रधान मुख्य वनसंरक्षक श्री. सुभाष चंद्रा आनी पणजी महापालिका आयुक्त श्री. संजीत रॉड्रिग्स हजर आशिल्ले.

पुरस्कार जैतवंत श्रीस्थळ आनी आगरवाडा चोपडे जैविकविविधताय वेवस्थापन समितींचे अध्यक्ष आनी वांगडी तशेंच वैयक्तिक गटातले पुरस्कार जैतवंत श्री. सुर्यकांत गांवकर, श्री. जानू गांवकर आनी हेर खास तोखणाय पुरस्कार जैतवंत कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

पर्यावरणमंत्री आनी गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाचे अध्यक्ष श्री. निलेश काब्राल हांणी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ल्या मुखार व्हिडिओ संदेशातल्यान विचार मांडले.

मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ. प्रदीप सरमोकादम उपस्थितांक येवकार दिवन पुरस्कार जैतवंताची वळख करून दिली. तशेंच तांणी मंडळाच्या कार्याचीय माहिती करून दिली.

कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे पर्यावरण सचीव श्री. कुणाल हांच्या हस्तूकीं जैतवंतांक पुरस्कार भेटयले.

पुरस्कार जैतवंतानीय आपले विचार मांडले आनी सरकारान तांच्या जैवविविधताय, जीवशास्त्र आनी पर्यावरण जतना खातीर केल्ल्या प्रयत्नांची दखल घेतिल्ले खातीर सरकाराचे उपकार मानले.

श्री. सुभाष जाण हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/526

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA